मनोभाव

(कविता संग्रह)

• एच. मनोज

8H11
Poem -> Dev
MAN

पुराय नाव: मनोज जनार्दन हळर्णेकार
टोपण नाव : एच मनोज
कविता, कविता विश्लेशक,
कथा अनुवादक
आनी वृत्त पत्रीय लेखनाची आवड.

प्रकाशीत जावचे मार्गार आसा
श्रावण सरी – कविता संग्रह
कविता एक रुप अनेक – कविता विश्लेशण

विश्व कोंकणी केंद्राक
मोगाळ भेंट.

मनोभाव

(कविता संग्रह)

एच. मनोज

H. Manoj
'Shantayee' 141/F
Green Valley Post Chicalim 403711
Writer, Poet, Analyst, Translator
Mob.: 9822441417

एम एन्ड एम पब्लिकेशन्स
ग्रीन व्हेली, चिखले, गोंय ४०३७११

KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)
World Konkani Centre
Lobo Prabhu Nagar,
Konkani Gaon,
Shakthinagar,
Mangaluru,
575 016.

8411
Poem-> Dev
MAN

MANOBHAV

मनोभाव (कविता संग्रह)

- पयली उजवाडावणी : २०२०
- बरोवपी : **एच. मनोज**
  मो. ९८२२४४१४१७
- प्रकाशक : **एम एन्ड एम पब्लिकेशन्स**
  शांताई १४१
  ग्रीन व्हेली, चिखले,
  गोंय ४०३७११
- छापणावळ : **अक्षर रचना,**
  पणजे, गोंय ४०३ ००१
  मो. ७७९८५३४२८
- मुखपृश्ट : **अब्दुल रझाक वालिकर**
- मोल : १५० रुपये

'मनोभाव' काव्यझेलो
हांव म्हजी आई
सर्गेस्त श्रीमती शांताबाय
हांका ओंपतां.

आड-मोडणां नाशिल्ली कविता

कोंकणी कवितेन आपणाक तरांतरांनी अभिव्यक्त केल्या. केन्ना ती गीतरांगेच्या ल्हारांचेर स्वार जावन प्रगटल्या. जाल्यार केन्ना ती छंद-मात्रच्या नादाचेर ताल धरीत उतरावल्या आनी तितलीच ती मुक्त छंदातल्यानय गायत गायत आपणालें रुप उगतायत आयल्या. सगळे प्रकार तिणे आपलेशे केल्यात. जितली ती गेय रुपकारांत अवतरल्या तितलीच ती बंध-विरयत मनमेकळ्या पणान आपणालें रुप उगतायत आयल्या. ते नदरेन पळयल्यार एच मनोज हांच्या मनोभावान तिका उगत्या मळार मनमुक्त पावली मारपाची मेकळीक दिल्या. तिणें छंद-मात्रांची आडवणां कुशीन दवरल्यात आनी आपणाली एक विशिष्ट अशी चाल चलप तिणें पसंत केलां. ही कविता चडशी एका विशयाक व विचाराक घट्ट धरून, आडमोडणां घेना आसतना आपणालें मन वा मनोभाव व्यक्त करता. पुराय संग्रहांतल्या कवितांचेर नदर मारल्यार तिणे आरंभ ते अखेर मेरेन एकच रुपकार सांबाळ्ळा. तांतूत मुध्दाम अनुप्रास यमकां जुळोवपाचो यत्न ना. कवितेंतलें एकाद्रें मुखापद वा पालुपद मात काय ओळीच्या पुंज्या उपरांत पुनरुक्त जाता आनी कवितेचो मनोभाव वाचतल्याक याद करुन दिता. कविता वाचतना, एका विशयाचो विचार-विस्तार वाचिल्ले भाशेन दिसता. कवितेंतलो काव्य-भाव, बऱ्याचशा प्रमाणात ह्या विचार-विस्तारान वा वर्णन-रुपान आपणाल्या पालवा खाला धांपिल्लो दिसता. हे कवितेक तशें पळोवंक गेल्यार खंयचोय विशय वर्ज्य ना. तिका समाजकारण लागता तिका राजकीय घडणुकांचो स्पर्श जाल्लो दिसता. सरभोंवतणी घडपी विंगड -विंगड गजाली तिचे नदरेंतल्यान सुटनात. विशयांविशीं सांगपाचेंच जाल्यार हे कवितेन जे विशय हाताळ्ळ्यात तांतूत आवय, नातें, शीण, मनीस, सवणें, जीण, खंत, मायभूंय, मिशन चंद्रयान, फुडारी, न्याय, संवसार पाडवो, हारसो, कर्फ्यू, म्हादय, केळ, कुळागर, सुवाळो, ख्यास्त, संद, बाजार, विंग कमांडर अभिनंदन अशे साबार विशय

येतात. हे तरेचे विशय हेर कवीनीय आपआपले पद्धतीन घोळयल्यात. पूण

मनोभावांत कवीन तांका आपणाले अशें मोड्ण दिलां, देखीक 'डायरी' ही कविता. हे कवितेंत मन एक डायरी अशें म्हणत कवी बरयता...

काळजाच्या काळखाकुडींत
भुरभुर व्हांवत्या स्वासांत
काळ्या कुट्ट तुज्या दोळ्यांत
याद करपाक मेजल्यो राती
केली जीण हुस्क्या मेकळी
त्या खिणाची याद करपी
'मन' एक डायरी
सुकते भरतेन भरिल्ली
काट्यां खुट्यातल्यान वाट काडीत
नेटान दोंगर चडपी
न्हंये सारकी व्हावत रावपी
खिणांखिणांक रंग बदलपी
हेच तें
'मन' एक डायरी

आनीक एक कविता – हांव गो म्हजो उरलो ना, ह्या संग्रहांतली ही प्रेमरंगी कविता. कवी म्हणटा...

देखलें तुका ज्या दिसा
हांव गो म्हजो उरलों ना
मन गो म्हजें जालें पिशें
मातूय म्हाका कळ्ळेंना
हांव गो म्हजो उरलो ना

हे कवितेंत जी भावना व्यक्त जाल्या ती तशी कोणाक सोडिना. कवीक तर ती कशीच सोडिना. ती कवितेक रसगर्भ करुन सोडटा.

कवी बरोच भावीक वृत्तीचो दिसता. 'नमन तुका लयराई माते' हे कवितेंत ती वृत्ती प्रगट जाल्या. कवी बरयता..

तुज्या पायां लागी भक्तगण
घेवन येता आपलीं गाराणी
श्रद्धा भाव तांच्या मनांत
कृपा दृश्टी तुज्या काळजांत
दुखणी तांची तूं पयस करता
नमन तुका लयराई माते

खंयच्याय नीज गोंयकारा सारकोच कवी जीवन दायिनी म्हादयक विसरना. तो म्हणटा..

म्हजी म्हादय जिरवीत फुलयता
शेतां भाटां पिकयता
तिका लागून
अन्नाचो गोटो जिबेर पडटा.

कवी जेन्ना म्हादयची दुखां पुसपाचो यत्न करता तेन्ना तो फक्त हवेंत वाऱ्यार तरंगत रावना. तो आपणाले पांय भूंयेर दवरून चलता. कवी आसलो म्हूण कितें जालें ताका काव्याच्या ल्हारांचेर पेंवतना वास्तव जिणेंतय सांबाळून पावल मारपाचे संतुलन राखपाची कळाशी साधून जाय. कविता ही एक साधना. तिचो रुपकार म्हत्वाचो न्हय. कविता म्हणटा ती रस–रंग–गंधाच्या म्हासागराचेर बुडून वचूंक जाय. कवी मनोज हाणीं ह्या सागराचेर वयलेवयर उफेनासतना ताच्या तळाक घास घेवन येवपाचो ध्यास बाळगूंक जाय.

नागेश करमली
'मानसदीप'
चिंबल, गोंय

*****

मनोभाव

आयज म्हजो 'मनोभाव' कविता झेलो उजवाडावंक येता हाची म्हाका खोस भोगता. जायती वर्सां जाली हांव बरोवंक लागल्यार पूण पुस्तक उजवाडा येवपाक योग येवचो पडटा अशें म्हणटात खंय तो योग घडये आतां आयलां जावंये. म्हजी आई सदांच म्हणटाली, 'घडे भरल्या शिवाय वडे मेळना.' कितेंय जांव आयज म्हजें एक सपन साकार जाता ही खरी गजाल देखून ह्या खिणाक मन मेकळे करचेंशें दिसता. म्हजो व्हडलो भाव डॉ. रामकृष्ण हळर्णेकार एक बरो लेखक आनी कविताय बरयतालो. तांच्यो कविता हांव वाचतालो. कोणायचें लग्न वा हेर कसलोय सुवाळो बी आसत तर तो आहेर दिता आस्तना एक खाशेली कविता बरोवन ती पाकिटांत घालून तांका भेट म्हूण दितालो. तेभायर नवें वर्स लागले म्हणटकच ताका कोण ना कोण नवी डायरी हाडून दिताले ते डायरेर एक नवी कविता तो बरोवन दवरतालो. म्हजे भितर कविता करपाची कला घडये म्हाका ताचे कडल्यान फावो जाल्या आसत अशें म्हजें अंतर मन म्हाका सदांच सांगता.

कोंकणी शिक्षक सनद शिकता आसतना म्हाका कोंकणींच्या म्हालगड्यांक मेळपाची संद मेळ्ळी. जशे भौ. नागेश करमली, भौ. एन शिवदास आदी. तांचे कडसून हांव जायते शिकत गेलों म्हजे कोंकणीत भर पड्डूंक लागली. म्हाका कविवर्य सर्गेस्त दोतोर मनोहरराय सरदेसाय आनी सर्गेस्त बाकीबाब बोरकर हांच्यो कविता आवडपाक लागिल्ल्यो. सर्गेस्त कवि रमेश वेळूस्काराली 'सावुल गोरी' कविता सादर करताना तांचे पळयल्लें हांसरे मुखामळ दोळ्या मुखार येवन हांव केन्ना कवनां बरोवंक लागलों हाचो मात पूण पत्तो म्हाकाच लागलो ना. ल्हवू-ल्हवू म्हजी कोंकणी वाचपाची आनी बरोवपाची कला फुलत गेली. हांव स्कूलाच्या गरजां प्रमाण बरोवंक लागलो जशो जशो कार्यावळी वा सर्ती जाताल्यो हांव साहित्य बरोवन भुरग्यांक दितालों. म्हजें पयलें नाटकुलें 'शेणिल्ली नोकरी' भुरग्यांक खूब

आवडली. ताच्या उपरांत 'म्हजो इश्ट टेलिफोन घेता,' 'एकपात्र शांताबाय', 'हांव पोलिथीन उलयता', 'कर्दें', 'आंब्याताळो', 'म्हजी कोंकणी पोसकी जाल्या', 'व्हाळ', 'मालवणी मामा', 'परत फेड' अशें जायते लिखाण हांवें केले आनी करीत आसा. कांय नेमाळ्यांनी प्रसिध्द जाल्यांत. एक खंत मनाक सदांच खाताली ती म्हणल्यार अजुन मेरेन पुस्तक रुपान म्हजें साहित्य उजवाडाक येवंक नाशिल्लें हाची. म्हजी घरकान्न सौ. मनाली हिणें म्हाका सदांच पालव दिला. कितेंय बरयलें म्हणटकच तीचो पयलो अधिकार ह्या नेमा प्रमाण ती वाचता आनी फावो त्यो सुचवण्यो दिता. तशोच म्हज्यो चलयो मानसी आनी मयुरी म्हज्यो कविता आवडीन आयकतात.

नामनेची शिक्षिका आनी भाशा तत्ज्ञ विनंती कासार हांच्या उपकारांत रावपाक म्हाका सदांच आवडटलें. ताणी म्हज्यो सगळ्यो कविता वाचून शुध्दलेखनाच्या नेमाप्रमाण जाग्यार घालून त्यो निखारल्यो. ते उपरांत गोंय सुटके झुजारी, नामनेचे कवी आनी लेखक भौ. नागेशबाब करमली हांणी 'मनोभाव' कविता संग्रहाचेर पुराय अभ्यास करुन प्रस्तावना बरोवन दिली आनी कांय सुदारणाय केल्यो देखून तांचे मनापासून उपकार मानतां. पुस्तकाक योग्य अशें नांव बाय सुलक्षणा गडेकर हांणी सुचयलें आनी मुखपृश्ट अब्दुल रझाक वालिकर हांणी काडून दिलें देखून तांचेय मनाकाळजांतल्यान उपकार.

हें पुस्तक छापून दिवपी 'अक्षर रचना' आनी तांचे वांगडी हांका चडात चड देव बरें करुं. म्हजो शिक्षक सर मुकूंद कांबळी, इश्ट आनी कवी भालचंद्र नाईक, प्रसाद पागी, 'भांगरभूंय'चे संपादक आनी तांचे हेर वांगडी तशेच नामनेचे कवी बाब गौरीश वेर्णेकार, कोंकणी निरंतरी पयणारीचे वल्ली फ्राडूस. भौ. डॉ. भूषण भावे आनी भौ. दिलीप बोरकार हांच्या पालवान म्हाका सदांच रावपाक आवडटलें आनी बाय पल्लवी विनय साळगांवकर हांचोय हांव उपकारी जावन आसां.

एच. मनोज
'शांताई'
ग्रीन व्हेली, चिखले, गोंय.

*****

मांडावळ

१. समर्पण ११
२. आवय ! १३
३. कृष्ण कळी ! १५
४. डायरी १६
५. अतूट - नातें १८
६. कुंवर यशोदेचो १९
७. हांव गो म्हजो उरलो ना २१
८. साथ २३
९. नवी वळख २५
१०. सपन बाग २६
११. शीण २७
१२. मनीस २९
१३. इल्लेंशें सवणे ३१
१४. जीण ३३
१५. ल्हार............................. ३४
१६. एक केळ ३६
१७. खंत ३७
१८. हे माय भूंये... .... ३९
१९. चलत राव ४१
२०. विंग कमांडर अभिनंदन ४३
२१. फसले प्रयोग सत्याचे ४४
२२. उठ गोंयकारा जागय रात ४६
२३. मिशन चंद्रयान ४८
२४. गोंयचे राखणदार ५०
२५. फुडारी ५१
२६. जायात गिन्यानी ४३
२७. न्याय ५५
२८. सलाम ५६
२९. जीण सवण्यावरी ५८
३०. नमन तुका लयराई माते ५९
३१. संवसार पाडवो ६१
३२. वळार ६२
३३. मागणे ६४
३४. हारसो ६५
३५. निळें तळें.......................... ६६
३६. खेव ६८
३७. वळण अशें घातकी ७०
३८. हें दीस जावं दी पयस... ...... ७१
३९. कर्फ्यू............................. ७३
४०. सावट............................. ७५
४१. नजराणे ७६
४२. आट्टा म्हादय ७८
४३. राखणो माकड ७९
४४. शितळ कुळागर ८०
४५. तिनसांजचो काजुलो ८२
४६. उबाळाचे दीस ८४
४७. सांवर ८६
४८. काजळी रात ८८
४९. भंगलीं सपना ९०
५०. सुवाळो ९२
५१. ख्यास्त ९४
५२. शिटूक ९६
५३. तें ९८
५४. संद १००
५५. बाजार १०१
५६. दीस श्रावणाचे १०३

समर्पण

देवा श्री दामबाबा
दर्शन घेता दर दिसा
करुंक आमचीं जीण समर्पण
नवस फेडूंक येता भक्तगण
भक्तीभावान घालता प्रदक्षण

रुपां तुजीं वेग-वेगळीं
कोण म्हणटा श्री लींगेश्वर
कोण म्हणटा श्री शीवशंकर
तूं जावन आसा आमचें श्रध्दास्थान
शिंवर सगल्या भक्तांचेर सूख समाधान

तुवेंच बाबा सगल्यांक राखचें
पयस कर आमचें दुखणें
चुकले माकलें आसत जाल्यार

दी आशिर्वाद सगल्यां पासत
सदांच नांव आसचें तुजे ओंठार
घोळचो विचार बरो मनांत

करुंक हीं अरिश्टां दरया पार
देवा तुंच दी यश सगल्यांक अपार

ओंपता बेल फुलां तुज्या पांयांर
करुंक बरी तुजी सेवा
मानून घे आमचो अभिषेक
फांकू दी उदरगतीचो उजवाड

*****

आवय

हांव आवय
सान भुरग्याची
पाळण्यांत खेळटल्या सानूल्याची
म्ह-यांत आसत तर..
लिकलिकीत दोळ्यांची
ताची म्हजेर नदर
दोळ्या आड गेलें
तर उका-यानी रडलें
फाटी वळ्ळें , मुमुरखें हांसलें !

हांव आवय
त्या सवण्या वरी
जीव तोडून वावर करी
गांव भर हेडून
म्हजे चोंचीन
दाणो गोटो हाडून
पिलांचें पोट भरीन
घोटेरांत पिलांक उबेक धरुन
मोग आनी माया करीन !

हय...
हांव आवय
कवितांनी वाचिल्ली
बरोवप्यानी घडयल्ली

काणयांनी आयकल्ली
धुवेन अनुभविल्ली
आवयन कुरवाळिल्ली
बापायान मिरयल्ली
हांव आवय
तीच ती बापायची सानूली
हांव आवय

*****

कृष्ण कळी !

शेजाऱ्याक आसा चली
तिच्या गालार खळी
न्ही ती गोरी
मायाळ बरी
कोणेय कितेंय म्हणलें तरी
तिच्या दोळ्यांत दुकां भरी
रोखडीच निवळतली
विनयशील वागतली
बरें देखीची
बरे करणेची
उचेंल्या विचाराची
कर्तुपाचो भार तिच्या भुजांर
अडिल्लया नडिल्लयांक
वेळाकाळार दिता आधार
मन तिचें इतलें उदार
करिना स्वत्वाचो विचार
सगळ्या गुणानी संपन्न

हांसते नुरेची
विशाल नदरेची
हीच ती कृष्ण कळी
जिचो परमळ जळीमळीं

*****

डायरी

सकाळ ते सांज मेरेन
ना हिशोब, ना कोंत
खोशये वा दुख्खांची
असंख्य खिणांची
बऱ्या वायट खबरांची
'मन' एक डायरी

जिणेचें गणीत करपी
दुश्टांचो थाव घेवपी
इश्टांचो लाव घेवपी
चैतन्याचो भोग घेवपी
सुखाच्या पांगरुणांत
संवसाराची खबर घेवपी
'मन' एक डायरी

काळजाच्या काळखाकुडींत
भुरभुर व्हांवत्या स्वासांत
काळ्या कुट्ट तुज्या दोळ्यांत

याद करपाक मेजल्यो राती
केली जीण हुस्क्या मेकळी
त्या खिणाची याद करपी
'मन' एक डायरी

सुकते, भरतेन भरपी
काट्यां खुट्यातल्यान वाट काडपी
नेटान दोंगर चडपी
न्हंये सारकी व्हावत रावपी
खिणांखिणांक रंग बदलपी
'मन' एक डायरी

*****

अतूट नातें

जडलें नातें तुजें म्हजें
कोणूच तोडूंक शकना तशें

शिरांधारांनी व्हांवता मोग
जावन रगत तांबडे अशें

आसल्यो जरी देह कुडी दोन
कर्तव्यदक्ष हांव,
तूं गो साक्षात लक्ष्मी

तुजे म्हजें एक चित्त
रंगोवंक फुडाराचें चित्र
येवचें तुज्या फाटल्यान
पावलार पावल दवरुन
एकामेकाक साथ दिवंक
जीण जैतीवंत करुंक
सोबोवंक आमचें अतूट नातें !

देवा लागी एकुच मागणे
दी गा देणे सासणाचें
साबांळूक तुजें म्हजें
अतूट नातें
लक्ष्मी नारायणाचें
तुजें म्हजें अतूट नातें

*****

कुंवर यशोदेचो

हे यशोदेच्या लाडक्या कुंवरा
कित्याक रे असो सतायता ?
लिपून रानां-वनांत खंय भोंवता ?
तुजे कुडी परमळ येता घेवन
शितळ वा-या चवरां
तेन्ना शिरंतरांत पेट्टा किटी

ध्यानी मनी तुंच रे राया
सख्यो म्हाका तिडायता
चित्त म्हजें तुज्याच भोंवती
मन्न तुजे यादीन तानभूक न्हिवता
हे यशोदेच्या लाडक्या कुंवरा
कित्याक रे असो सतायता ?

पडलो कानार मुरली स्वर
आयलो म्हज्या जिवांत जीव
नाजाल्यार सख्यो भोंवतात
सोदुंक तुका जळा मळा
हे यशोदेच्या लाडक्या कुंवरा
कित्याक रे असो सतायता ?

सख्यो म्हजो उबगल्यो आतां
दी रे दर्शन, ना तर आमी वतात

दिसत झोंपांत मोर पांख
कित्याक करता दोळे झांक
तळमळटा हांव पाकुलें जावन

हे यशोदेच्या लाडक्या कुंवरा
कित्याक रे असो सतायता ?

मेळूंक तुकां जालां उचांबळ
 नदर म्हजी तुजे वाटेर
लायला म्हाका तुवें लळो
पळोवंक तुका जीव लागला गोळा
हे यशोदेच्या लाडक्या कुंवरा
कित्याक रे असो सतायता ?

पुरो जालो पोर खेळ
यो रे सामकारा
जप तुजो करतां करतां
सवर्णी उडलीं दिगंतरा
हे यशोदेच्या लाडक्या कुंवरा
कित्याक रे असो सतायता ?

*****

हांव गो म्हजो उरलों ना !

देखलें तुकां ज्या दिसा
हांव गो म्हजो उरलो ना
मन गो कशें
जालें पिशें,
मात्तूय म्हाका कळ्ळें ना
हांव गो म्हजो उरलों ना

केन्ना तुका मेळूंक
उतर तुका धाडूंक
तुजो हयकार आयकूंक
मन गो जालें गर्भगळीत
हांव गो म्हजो उरलों ना

तुजे कडल्यान
आयलें उतर
तृप्त जालें म्हजें मन
यो गो आतां मेळूंक
जालां हांव आतूर
हांव गो म्हजो उरलों ना

आयलें तूं म्हजें जिणेंत
मुदयेचें थीक जावन
पसरायलो मोगा परमळ
गुलाबाचें फूल जावन

जीण गो म्हजी फुल्ली
तुज्या अस्तितवांत भरली
हांव गो म्हजो उरलों ना

हांव गो जालों तुजो भोंवरो
तूं गो म्हजें फूल
सासणाची एक जावंया
एका मेकाक सांगात दिवया
सांगातान
जीण फुलोवया
एकामेकाक साथ दिवया

*****

साथ

साथ तुजी मेळत तर
जिवीत अशें फुलतलें
नवी वळख घडटली

पाचवें मन ओड लायता
तुज्या मोगाक आशेता
दोळे तुजो थाव घेता
जाय गो मोगाळ साथ

उतर तुजें केन्ना येतलें
उमेदीचीं ल्हारां घेवन
पळेता वाट आशेन हांव
जाय गो तुजी साथ

जातली जीण सपन बाग
मन जाला थतरबितर
रितो हांव तुजे बगर
जाय गो तुजी साथ

नाद तुज्या पांयजणांचो
भुरळ घालूंक लागता मनाक
उठटा काळजांत उमाळे
जाय गो तुजी साथ

उलो तूजो आयकलो
हावेस म्हजो फुलून गेलो
तुज्या म्हज्या नात्याक आयज
परमळाचो रंग भरलो
देखून मोगा सांगता तुका
जाय गो तुजी साथ

*****

नवी वळख

भुरभुरत्या वाऱ्यां वांगडा
मन म्हजें गायता
हांव मुमुरखें हांसता
जेन्ना म्हजी नवी
वळख म्हाकाच घडटा

ना मनांत म्हज्या
येता कसलींच चिंतनां
ना म्हाकां हेरांची पर्वा
उडटा म्हजें मन
रंगरंगयाळ्या फुलपांखरा वरी
जेन्ना म्हजी नवी वळख
म्हजी म्हाकांच घडटा

उगत्या दोळ्यांत पळेता
सोबित जिवीताचीं
म्हजीं फुडलीं सपनां
तेन्ना म्हजी नवी
वळख म्हाकांच घडटा

भोगता म्हाका मनांत खोशी
भिता नदर लागत म्हजीच अशी
तेन्ना म्हजी नवी
वळख म्हाकांच घडटा

*****

सपन बाग

आमची जीण जांवदी सपन बाग
फुलुं दी रंगरंगयाळीं फुलां
गुंथूंक नाजूक सोबीत माळ
भरुं दी जिणेंत खोशये रंग
करुंक मठी एक सर्ग
जीण जांवदी सपन बाग

नाजूक बरो विलुदी फुलोर
परमळ मायेचो पातळावंक
येतल्या वतल्या मनाक भुरळ घालूंक
सुखी जिणेक नारे सोडप
भितर सरतच नदरेन भरप
जीण जांवदी सपन बाग

शिंपता बागेंत उदक शितळ
वाडोवंक रोपटीं बाग पिकाळ
शेवतीं, गुलाब, मोगरीं, आबोलीं
मनशाचींय मना जावंदी निर्मळ
जुळोवंक मनाक मनां
जीण जांवदी सपन बाग

*****

शीण

भुरग्याक शीण आवयचो
आवयचे मायेचो,
तिच्या दुधा पान्न्याचो
आवयन भुरग्यां पसत कितेंय केलें
भुरगीं मात करतात शीण

आस तांची भागना
आवयचो मोग उणो ना
मर मर मरता ती
आपल्या पाल्याक घालता जीव
तरी पूण पुताक तिचो ना शीण

भुरगी कांणटा धुमशेणां
आवयक तीं आयकना
सांगता तिका शाणेपणा
तरीय ती तोखेता
भुरग्यांक दिसता पिशेंपणा

आवय बाबडी तिश्टेता
वेंगेन भुरग्यांक घेवन सदां
लाड तांचे पुरयता
तरीय म्हणटा भुरगीं आवयक
कितें केलां तुवें म्हाका

मागणे करीत करीत
धांवता आवय कशीबशी
आवय सदांच आवयवरी
सभाव तिचो थंड शितळ
देवान दिलां तिका बळ

*****

मनीस

मनीस मनशाक
हासयता
केन्ना रडयता

बरेपणान ....
जिवाक जीव लायता
जालें वायटपण
घालता धुमशेण
होच तो मनीस...

खोशयेन आसत
वावुरता इश्टा पसत
लार्गी आसत ...
येता धावत
वासपूस करुन
हेवटेन तेवटेन भोवून
काडटा उपाय सोदून
होच तो मनीस...
आसत तो

दुखी
राम नाम जप
ताच्या मुखी
ओठार ताच्या

सदांच हांसो
श्री रामाचो भक्त कसो
होच तो मनीस...

जिवाक जीव
दिवपी
वेळा-काळार
पावपी
ताचें जिवित
म्हणल्यार
व्हांवतो झरो
होच तो मनीस
जिवाक जीव दिवपी

*****

इल्लेंशें सवणे

इल्लेंशें सवणे
अचकीत उडत आयलें
दशणीचेर वचून बसलें
चिंवचिंवूंक लागलें
तशें दशणी फूल भारावलें

म्हणूंक लागलें
यो गो सवण्या
तुजीच वाट पळेतालीं
घे गा म्होवां पान्हों
सवण्यान म्हणलें
ताकाच तर हांव आशेल्लें

दशीणी देंटान विचारलें
सवण्या पिला
कळाव कित्याक जालो
पिवंक अमृत
सवणें जालें हांसत गुल्ल
नखरे सवण्या पळोवन
पाचवीं पानां लजलीं

तिकतिकपी पांखांक
ल्हवूल्हवू दसली, तशें
सवणे मोगान रुसलें

पोट जशें भल्लें
इल्लेशें सवणे
भुर्र करुन उडलें
पळोवन सवण्या खोशी
दशीण बाबडी
तोंड भर हांसली
म्हणूंक लागली
फाल्यांय तुजी वाट पळयतली
इल्लेशें सवणें
आयकूंक खंय रावलें ?
भुर्र करुन उडलें
दिगंतरा पावलें

*****

KONKANI BHASANI SANSKRITI PRATHISTAN (R) *

जीण

मनासारकी जगूंक जीण
पर्वा ना करची जनाची
ध्येय आनी चिकाटी
हीच मागणी जिणेची

अडली जरी वाट
कांटे-खूंटे माड्डीत
मुखार वचत रावचें
सपन साकार करचें

चलतना जीणे वाटेर
धिटाय सोडचोना
दैत्य कितलींय करूं दैना
विश्वास तुजो डगमगचोना

सत्याची कास धरची
सकारात्मक विचारांची
सोंशीकपण दाखयशी
एकवटाचो संदेश दिशी

तरुच जीण सुखाची
भाग्याची आनी सासणाची

*****

ल्हार....

ल्हार.....
केन्ना उसळटा
केन्ना शांत
केन्ना तुफानी
केन्ना भिरांकूळ
म्हणटा कशें
जायात झुजारी

रखरखत्या सुर्या देवाक
दिता साथ
दीस रात
वोत सावळी
पावस गीम
वादळ वारें
शितळ थंडी
सोंशीत येता
चान्न्या राती
कळीत करुंक
धीर केन्ना
सोडी नाका

सगळी बंदना
पयसावन
ल्हारार ल्हार

घेवन येता
सोडिना केन्ना
साथ दर्याचो
केन्ना सुकती
केन्ना भरती

घेवंची देख
ल्हाराची
करूंक जीण
सुखाची
शिकवण ताची
एकचाराची

*****

एक केळ

उबी एक केळ पिकाळ मातयेंत
तेंकून केळमे उबें पोरसांत
साक्ष दिता येत्या वतल्याक
आपली सासणाकाय

दर सोमार आनी शुक्रार
देवाक निवेद्ध केळीच्या पानार
कोणायगेर आसत पूजा
घाव तिच्या केळम्यार

घेवंची सावळी पांचव्या पानाची
सवण्या पिलांनी चिमण्यानी
तिच्या मुळांचो आदार कोंबे पिलांक
पोट भरुंक गायडोळांनी

ब्रम्हकमळा वरी फुल तिचें
जेन्ना येता पोसवणी
घालात चडशें उदक घरकान्न म्हणी
जावंक तिका आदार, पिकूंक घड वेळार

आसा एक केळ पोरसांत
तयार ती केन्नाय
करुंक येवकार माटवा मुखार
दिवंक सांगात लग्ना कार्यांत
आसा एक केळ पोरसांत

*****

खंत

मनीस जल्माक येत सावन
खंत ताजी सोडिना फाट

आवयक भुरग्याच्या जल्मा पयली
तशेंच जल्मा उपरांत खंत

सान भुरग्यांक आवय
नदरेआड वचत काय ही खंत

शिकतल्याक अभ्यासाची
बापायक खंत तांच्या फुडाराची

भावाक भयणीची, भयणीक भावाची
सपना साकार जायत ना जायत ही खंत

खेळटल्याक जिखपाची
हारतल्याक लजेची
खंत तांचे जिणेची

घरा भायर सरतल्या जण एकल्याक
सुखरुप परतुपाची
जिणेक मरणाची
आत्म्याक नर्काची

खंत तुज्या म्हज्या
सासणेकायेची

सांगात संवसारार कोण
जाका ना कसलीच खंत
उगताय नाका खंत केन्ना
ती जावन आसा मरणाची साथ

ध्येय आनी बुध्दीन
करुंक ताचेर मात
सोडया दूख रावया मेकळे
जोडूंक मनीसपणाचे उमाळे

*****

हे माय भूंये...

हे माय भूंये
येवचें ओठार तुजेंच नाव
करुंक तुजी तुस्त
आसचो तुजो सदांच जय

सुर्या किरणा वरी लकलकीत
पडूं दी उजवाड संवसारार
फांकूं दी हांसो तोंडार
आसचो तुजो सदांच जय

वडा वरी व्हड तुजें मन
कोगुळेवरी जांव दी तुजो साद
घुमूं दी सैमात तुजी सासाय
आसचो तुजो सदांच जय

हिमालया वरी तुजो निर्धार
पाशाणा वरी प्रबळ सपन
साकार करुंक दिवशी बळगें
आसचो तुजो सदांच जय

सांज दंव्या वरी शितळ माया
उज्या वरी अमोघ शक्ती
दुस्मनांक नश्ट करुंक

आसचो तुजो सदांच जय
अनंत काळ रुजोवंक वसती

समेस्तांक दवरशी निरोगी
एकूच मागणी हे माय भूंये
दी वरदान हाडूंक संवसारांत शांतिकाय
आशिर्वाद तुजो आसचो सदांच.

*****

चलत राव ...

हे तरणाट्या ...
उदरगतीचें मारतलो पावल
तेन्ना पांयांक तोंपतली
कांटयारी वाल
तरुय तूं चलत राव...

फाटल्यान पळोवं नाकां
दुस्वास करतल्यांची
पर्वा करु नाका
तूं चलत राव...

मेळटलें वाटेर दोमळे
पळयतले हाडूंक आडमेळे
धीर ना तुवें सोडचो
तूं चलत राव...

केन्नाच मेळची ना
तुका फुलोर वाट
कर तुजें मन घट
तूं चलत राव...

ध्येय पुराय जावचेंना
अशें कोणेय सांगल्यार

कर तांची आडनदर
 तूं चलत राव...

एक एक क्षण
शाण्या तुका मोलाचो
केन्नाच ना वगडावंचो
 तूं चलत राव...

सपन तुजें जातलें पुराय
सोडू नाका तुजी धिटाय
होच खाशेलो उपाय
 तूं चलत राव...

हे तरणाट्या ...
तुज्याच हातान तूजो फुडार

आमी फकत तुज्या फाटल्यान
करुंक आदार वेळा काळार
 तूं चलत राव...
जैतिवंत जायत राव...

*****

विंग कमांडर अभिनंदन

राखलो आमचो मान तुमचें अभिनंदन
विंग कमांडर वर्धमान तुमचें अभिनंदन
दुस्मनाच्या आंगणात वचून नेस्तनाबूत
करपाक तुजेंच रे काळीज व्हड
विंग कमांडर अभिनंदन करता तुजें अभिनंदन

मिग २१ अस्त्र तुजें उडलो घेवन मळबांत
करुंक दुस्मनांचो फाटलाव दाखोवंक तुजो झेत
दिपकावले तांचे दोळे पळोवन तुजी धिटाय,
बळगें, शुरपण आनी निर्भयता
विंग कमांडर अभिनंदन करता तुजें अभिनंदन

दवरल्ली देशार जाणे वायट नदर
घेतली रोखडीच तुंवे तांची खबर
तिरंगी बावट्याची सोबा वाडयली, सोबयली
पटोवन दिलें सगल्यांक आमी महाबली
विंग कमांडर अभिनंदन तुजें अभिनंदन

धडधडलें काळीज दुस्मानांचे तुज्या भयान
पावयलो तुका मायदेशाक अभिमानान
याद दवरतलें तुजो ते मेळिल्लो एक
वस्ताद जाचें नाव वर्धमान अभिनंदन
विंग कमांडर अभिनंदन करता तुजें अभिनंदन

*****

फसले प्रयोग सत्याचे

स्वास घेवंक मेकळो
मानलो बापूजींचो सल्लो
सोडलें घर-दार जाले कंगाल
फुलोवंक स्वातंत्र्याचीं फुलां
केन्नाच धीर सोडलो ना
गेले ते झुजारी सत्याचे पुजारी

जिखूंक स्वतंत्रायेची घुडी
मारली ताणी होमखाणांत उडी
भोगल्यो ताणी अनंत यातना
दिलें सर्वस्व बलिदान
धरुन कास सत्याच्यी चडले सुळार
तेच ते झुजारी सत्याचे पुजारी

पालवली आयज सत्याची वात
सगळे कडे काळोख्र किण्ण
भोवंता सोदूंक सूख जळीमळीं
सत्याच्या नावान भाजली आपली पोळी
प्राण दिल्ल्या विरतायेक दिली तिलांजली
गेले ते झुजारी सत्याचे पुजारी

स्वार्थाच्या हातांत दिलें ताणी कोलती
देशाचे नांव घेत सादलें आपलें हीत
फसले ते प्रयोग आतां असत्याचे जीत
सत आनी अहिंसा उल्लें फकत नावाक
भरलीं आपलीं घरां दारां लुटून सगळी संपत्ती
गेले ते झुजारी सत्याचे पुजारी

*****

उठ गोंयकारा जागय रात

पर्जळट्या दिव्यातली सोपली वात
आयज संवसारार काळशी रात
पेटय चुडटी दाखय वाट
दुस्मान रावला करपाक घात
उठ गोंयकारा जागय रात

घुस्मटलेलो करूंक मेकळो स्वास
हिंदु मुस्लिम क्रिस्तांव जावन खास
दुस्मनांक आयज अद्दल घडयतले
ताठ मानेन फाल्यां वावुरतले
उठ गोंयकारा जागय रात

अन्याया आड पेटयतलें सुरींग
दिवचे नात जावंक सपन भंग
आडवो आयलो दुश्ट जर वाटेर
ताका न्हिदयतले मरणाचे तीरडीर
उठ गोंयकारा जागय रात

झोमून घेवंक जैताची गुढी
तयार आमी घेवंक उज्यांत उडी
धीर ना सोडचे फाटी ना सरचे
दुस्मानांक ना नपयत करतले
उठ गोंयकारा जागय रात

राखूंक गोंय, गोंयकारपण
जाणट्यांची शिकवण सांबाळ मनीसपण
गाजवंक गोंयचें नाव संवसारार
येतले जैतिवंत जावन फात्यांपारार
उठ गोंयकारा जागय रात
उठ गोंयकारा जागय रात

*****

मिशन चंद्रयान

मिशन चंद्रयान भारताचें कार्य म्हान
जाका पालव दिला पुराय भारतियान

हावेस चंद्राच्या दक्षिणी ध्रुवार देंवपाचो
जाचो फायदो पुराय मनीस जातीक मेळपाचो

धर्तरेच्या सगळ्यांत लागशिल्लो आसून
कोणूच पावंक ना थंय अजून

देखून संवसार रावला दोळे मोट्टे करुन
पळोवंक भारत कितें करतलो वयर वचून

संवसारांतलें पयलें अंतरिक्ष मिशन
तयार केला स्वदेशी तकनीक वापरुन

वैज्ञानिक सोदूंक चंद्रमामाचें रहस्य
रावतले धरतरीचेर सामकें तटस्य

विक्रम लैंडर आनी प्रज्ञान रोवर
हांचो उपेग शोद लावंक जातलो चंद्रार

नदर लागलीच कोणा पापयाची
तुटलो संपर्क विक्रम लैंडराचो

बाबडो पावतां पावता थकलो
म्हूण विसव घेवंक रावलो

कांय तेपान वतले परत
मिशन चंद्रयान आमचें कार्य म्हान

*****

गोंयचे राखणदार

राखणदार तुमी गोंयचे
ध्येय तुमचें मोलाचें

फेडूंक कर्तव्याचें रीण
करूंक लोकांची सुखी जीण

घेतला तुमी सोपूत
राखूक गोंयचें हीत

दीसरात पर्वा तुमकां
आमच्या रक्षणाची,
संपत्तेची, जिविताची
दिसले ते दुस्मान
केलें तांचें घट्टाण

पडटा दांडो फाटीर
फटींगपणा केल्यार

कायदो कोणूय मोडशी
शिक्षा ताका दिवशी

अशे हे आमचें
गोंयचे राखणदार
आमचो तुमकां सदांच सलाम !

*****

फुडारी

सोंपले ते निस्वार्थी फुडारी
आसा ते आपसुवार्थी
उदरगतीच्या नावान वांटो खावपी
व्हडल्यो व्हडल्यो फटाश्यो मारपी
सोंपले ते फुडारी भौसाचे फुडारी

आंगार धवी खादी, माथ्याक तोपी
पायांत कोल्हापुरी
ध्येय एकच सगल्यांची उदरगत
पळयताले तें ना कोण उरचो फाटी
सोंपले ते फुडारी भौसाचे फुडारी

आसचो फुडारी जो ना करपी
तरणाट्यांची बेकारी
तांचो फुडार घडोवपी
तांच्यात उरबा हाडपी
सोंपले ते फुडारी भौसाचे फुडारी

एका बिळांत मारलो खिळो
उंदिर पळ्ळे दुसऱ्या बिळांत
हीच गत ह्या फुडाऱ्यांची
चक्कर सगले तिकेट खातीर
कितेंय पडत कांय पळयता हातीर
सोंपले तें फुडारी भौसाचे फुडारी

सत्य आनी अहिंसेचो घेवन आदार
मागूंक मत भोंवता दारा दारार
मतां मागून जालीं जशीं
निवडणुक जिखली तशी
सुरु मागीर सत्येचो बाजार
सोंपले तें फुडारी भौसाचे फुडारी

दिल्ले उतर पाळटाले
लोकांची सेवा करताले
केन्नाच नेगार वचनाशिल्लें
अशें आमचे भौसाचे फुडारी
सोंपले ते फुडारी भौसाचे फुडारी

*****

जायात गिझानी

पेटता वात अज्ञानाची
केन्ना पालवतली
पळयता हांव
पेटोवपाक ज्ञानाची वात
जायात गिन्यानी

ही अज्ञानाची वात
काळोखच दाखयतली
उजवाडाची जाय वात
जोड्रूक जैत जिणेत
जाल्यार जायात गिन्यानी

सोपयात हो पोर खेळ
बसयात जिणेचो मेळ
सांबाळूक फुडार
करात शिक्षणाचो उजार
जायात गिन्यानी

जाला आमचो जल्म
बरे करूंक काम धाम
कश्ट करया जैत मेळोवया
संवसार गाजोवया

जावया गिन्यानी
कितलो काळ रावतले अज्ञानी
आतां तरी जग पळया
उगत्या दोळ्यानी
लासून अज्ञरुप काळोख
 जायात गिन्यानी
तुमी जायात गिन्यानी

*****

न्याय

न्याय मागीत मागीत
वर्सां सरलीं
निर्भयाची यार्दी वात
पेटत रावली

आवय बापायन तिच्या
धीर सोडलोना
देवा-धनया वयलो
विश्वास गेलो ना

आयज ना फाल्यां
निर्भया मनसुबी
गिराण सुटतलें
अशेच तांका दिसतालें

पळवाटो सोदूंक
निर्दयतानी यत्न केले
सत्या मुखार
राटी पोक्यो थारल्यो

जळीमळीं भोवन
ताणी घातली गाराणीं
न्यायदेवतेन सोपयली
कुच्छीत्रांची असली काणी

*****

सलाम

तुमकां आमचो हो सलाम
भारतीय फौज तुमी
कसलेय सुवातेंत झुजपी
देशा खातीर सर्वस्व दिवपी
तुमकां आमचो हो सलाम

राष्ट्रहिताक ओपली तुमी जीण
दवरपाक सुरक्षित नियंत्रण रेशा
भोगली तुमी असहाय वेदना
केन्नाच हाडलीं ना मना घरचीं चिंतना
तुमकां आमचो हो सलाम

बळगें तुमच्यांत बजरंग बलीचें
दर्शन दितात तुमी शूर वीरांचे
पारंगत तुमी लढाय कलेंत
अर्पण करुन प्राण राखतले मान
तुमकां आमचो हो सलाम

गलवान देंगण वा जांव नवशेरा
दिलें ना येवंक दुश्टांक आमचें भुंयेर
आमचो देश पवित्र आनी सुंदर
ताची जतनाय घेवचें आमचें काम
भुंयपुतानो तुमकां आमचो हो सलाम

चीनाचो डाव हेरांची भूंय बळकावप
आमचो जशाक तशी अद्दल घडोवप
केन्नाच न फाट दाखयतले
ना फाटीर दुस्मनाचे मारतले
असल्या विरांक आमचो सलाम
तुमकां आमचो हो सलाम

नामना जोडल्या संवसारार
ताकदवर झुजारी जावन साबार
डंक मारून वीरतायेचो शौर्याचो
राखलो देशाचो मान
तुमकां आमचो हो सलाम
शुरवीरांनो तुमकां हो सलाम

*****

जीण सवण्यावरी

रुखा तेंगशेर म्हजो घोंटेर
साथ दिता म्हजो वांगडी पोर
थाटला हांवें उबो संवसार
शेजराक आसा एक कीर

धरतरेचेर फुलतीं रानां
काण्णा, जांबळां आनी चुन्नां
मळबापोल्यार सुर्य पेटला
घेवन धवीफुल्ल किरणां

आस्त म्हजी इल्लीशी
जावची जीण सूखाची
मळबा कुपांनी राखची
पानां पानांनी लिपची

रुखा रुखार म्हजी सासाय
कोणाक तरी जाता नसाय
म्हजी आर्गां त्या सैमालागी
सायबा आतां जीण वाचय

पावसा पयलीं करुंक रावलां
वेवस्ता पुरुमेंताची तरुच
जातली जीण सुखाची
नाजाल्यार वाट पळोवंची आसोराची

*****

नमन तुका लयराई माते

न्हेसून पांचवो शालू भांगरा देगेचो
मुखामळार हांसो चंद्रकळेचो
आवड तुजी मोग-यां कळी
परमळ फांकता जळीमळीं
दर्शनाक भक्तगण आतूर जाता
नमन तुकां लयराई माते

धोंड करता भक्ती सेवाभावान
तळयेर तुजें उदक न्हावन
सोवळया व्रतान बेतकाठी घेवन
पांयांर नतमस्तक जावन
अग्नीदिव्य करता
नमन तुकां लयराई माते

तुज्या पांयांलागी भक्तगण
येता घेवन आपली गाराणी
श्रध्दा भाव तांच्या मनांत
कृपा दृश्टी तुज्या काळजांत

दुखणी तांची तूं पयस करता
नमन तुकां लयराई माते

तुजेच कृपेन सफल साधना
पुराय जाता आमचीं मनोकामना

ना कसलीच चिंता
आमच्यो चुको पोटांत घेता
तूंच आमचो सांबाळ करता
नमन तुकां लयराई माते

भक्तांक तारपी सज्जनांक पावपी
अशी तूंच आमची तारिणी
संवसारांतलीं विघ्नां पयस जावंची
हीच देवी मागणी आमची
दवर तुज्या पांयां लागी आतां
नमन तुकां लयराई माते

*****

संवसार पाडवो

आयलो संवसार पाडवो
तसो फुल्लों तोंडार हांसो

नवीं आशा नवीं सपनां
नव्या वरसाची हीच कवना

चैत्र पालवी पोपटी रंगान न्हाली
आंब्या काजू चंवर जळीमळीं

कोगळाकय नाद चडलो
वसंत सुवाळो सुरु जालो

घरां दारांक तोरण चडयलें
पोरसूं आंगण उठून दिसलें

ही गुढी जशी रोयली
मनशां मर्दी चेतना जागली

सृश्ट सगळी भारावली
आडा पिडा पयसावली

पवित्र गुढी समृद्धीचें
ल्हार घेवन आयली

*****

वळार

येतकच वळार वाड्यार
जमा जालीं पोरां, बायलां साबार
कोणाक तांबडें कोणाक पांचवें
सुरु जालो काकणां बाजार

हातान चडली काकणां
लजुन हांसलीं बायलां
रंगगरंगयाळी कांकणा
कांयच्च्या हाताक वणा

नवी व्हंकल आयली लजत
धेडयो लेगीत पांच सात
चुडो भरुंक बसली पाटार
मिरवंक हात वळारा मुखार

तो नेटान भरुंक कांकणा झेतान
म्हज्याय हातान जाय म्हणटा कशी शेजान्न
खोशये उमाळ सगळ्यां आंगार
गुलाबी कोर, व्हंकले पोल्यार

मुमुरख्यांनी सगळीं हांसली
पोरांय म्हणूंक लागली
काका !
आमकांय जाय कांकणा वेगळीं
हीं तुमकां तांबडी निळी
सोबीत रंगरंगयाळीं

*****

मागणे

देवा धनया पाव
हो कोरोना रोग पयस जांव
मागता हांव मागणे
पयस कर हें रागणें

देवा तुंच आमचो धनी
करुंक हो संवसार सुखी
हांव घालता गाराणें
पयस करुंक आमचें दुखणें

देख दी आमकां मोगाची
एकचाराची सासणीकायेची
स्वास्थ्याची घरांत रावपाची
कोरोना पयसावपाची

जावन सान भुरगो
मागता हांव मागणे
लोकडावन पाळपाची
बुध्द दी गा म्हज्या पालकांक

फावो कर सहनशीलताय
समस्त पेल्यांक ना आनीक
कसलीच आस्त देवा दी फकत
भलायकी बरी म्हज्या समस्त पेल्यांक

*****

हारसो

जावचें जिवीत म्हजें जसो लकलकीत हारसो
कर्तूपान म्हज्या फांकचो संवसारार हांसो !

हारशांत जशें आसता तशेंच दिसता
हेच गूण देवालागी हांव समेस्तांक मागता !

भायर एक पोटांत एक कूडीक ताचे मान्य ना
ओंठार एक जिबेर एक तोंडार ताच्या देखावो ना !

मुखार ताच्या जेन्ना हांव रावता तो म्हाका तोखेता
नदर कोणाची लागत म्हण पोल्याक लाय काजळ सांगता

खरेंच हारशा मुखार कांयच लिपून उरना
प्रतिबिंब दिसतच मिटून वता सगळी चिंतनां

गोरो सावळो मोटो बारीक हारशा मुखार कसलोच भेद ना
सतत तो उगडो उगडोसो कोणाचे गूट लिपयना !

मोहक अस्तुरीचो हारसो सजता धजता ती ताच्या मुखार
विश्वसू सखो नारीचो हारसो, साथ दिता सासणाकाळ

देख घेवंची हारशाची करुंक जीण जनहिताची
मेळत जैत ताच्या वरी कास धरीत सत मार्गाची !

*****

निळें तळें

आमच्या गांवचे निळें तळें
दिसतालें तांतूत मळबाचें रुपडें
तांबड्या साळकांनी भरिल्ले
पांचव्या तणान सोबतालें

शेकड्यांनी सवणी येवंची तळ्यांत
कांय विदेशी तर कांय देशी बकी
भागोवंक आपली तान भूक
बारीक मोटी नुस्ती खावंक

निळें तळें बायलांचो आदार
कपडे उमळूंक ती सदांच तयार
थंड शितळ उदकांत देवप
जिवाक बरी थकाय मेळप

गांवचीं भुरगीं येवंची पेवंक
साळकां पुजोवंक सवणी धरूंक
सांजवेळ जातच जोडपी येवंची
हातात हात घालून
सोबीत सपना रंगवंक

रघु, मोगू, शाणू नुस्तें धरुन
विकून पोट भरताले
निळें तळें गांवची सेवा करतालें

मनशान ताका पोखरुन खालें
एक दीस बाबडे आटोन गेलें
सगले नुस्तें मरुन गेलें
हेच तें गांवचे निळें तळें
दोळ्यां देखत सुकून गेलें

*****

खेव

मातला संवसारार खेव
गोळाक लायला मनीस जीव

पळयल्ली कितलीं रणभूंय
तशेंच रणशूर जावन उदार
झटूंक आपले भूंये खातीर
प्राण अर्पण करुंक तयार

पूण हो तर पाडो खेव
गोळाक लायला मनीस जीव

घातकी झुजां जालीं
अधर्मी लंकापती रावणालें
कुरुक्षेत्रार कौरव पांडवालें
मेले कितले मारले कितले
कोंत हिशेब तो देवच जाणां

पूण हो तर दुश्ट खेव
गोळाक लायला मनीस जीव

हांगा वर्सान वर्स मांडार खेळ
पदां गायलीं, दुल्पदां गायलीं
गाजली नृत्यांगना

पळोवंक नाशिल्लो असलो खेव
स्वास जाणे गुदमरुन दवरला

हो तर विचित्र खेव
गोळाक लायला मनीस जीव

हाडली हावळ जात्रा फेस्तांचेर
लायलो कलम लग्ना काजरांचेर
घेतली फाटी मनशांची मेकळीक
म्हणटा कसो मनीस तूं सामको सोंशीक

केन्ना जातलो पयस हो मस्तो खेव
जाणे गोळाक लायला मनीस जीव

वचचें आमी तोडून सगर्ली बंदनां
मनीस जातीक जीण परवडना
देवाचेर विश्वास पाळया संयम

मुक्त करोनाचेर मेळोवन जैत
जातले आमी परतून सक्षम

जाणे गोळाक लायला मनीस जीव
ताकाच गोळाक लायतलो मनीस जीव

*****

वळण अशें घातकी

जिविताचे वाटेर
घातकी वळण अशें आयलें
पळोवन मुखार आडमेळें
मन उदास जालें

उजवाडाच्या सुर्यादेवान
किर्णां हाडलीं काळशीं
तशें जिवीत रुसलें
गाल फुगोवन बसलें

अकस्मात सैमांत बदल
करुंक काळजांत कलकल
हो बदल कोणाक रुचलो ना
जीण मुखार कशीच वचना

घातकी वळण आयलें तशें
वादळ वाऱ्यान केलें पिशें
हुपून वळण मुखार वचें
केन्नाच ना फाटी सरचें

येतली जिवितांत जायतीं वळणां
धीर ना सोडचो कसोच केन्ना
घातकी वळण जातलें पार
जैत आमकां मेळटलें अपार

*****

हें दीस जांव दी पयस...

बांदून घेतला तोंडार लेस
पयस करुंक घातकी दुयेंस
सांबाळूंक आमची भलायकी
जाल्या आमी घर कामती
हें दीस जांव दी पयस...

विज्ञानवेत्तो काडटच लस
नानपयत हें दुयेंस
तो मेरेन दिस रात
राखया देश हीत
हें दीस जांव दी पयस...

चीन, आमरिका, स्पेन
इंग्लैंड, फ्रेंच, जापान
सगळे दुख्खान
सारल्या दिस रात भयान
हें दीस जांव दी पयस...

थाळी वाजयल्यो दिवे पेटयले
सोवळे रावन एकांतवास भोगले
कांय जण घात करुंक उठले
तरी सोडलो ना कसोच धीर
कित्याक
हें दीस जांव दी पयस...

वेळ आयला काळ येवं ना
एकवटाचो नेट सोडलो ना
सगली आडमेळीं ना करुन
मेळयतले फाल्यां जैत
आमचो दृढ विश्वास
हें दीस जांव दी पयस...

*****

कर्फ्यू

हांगा मारपीट, जाल्यार थंय पेटलो उजो
फोडले बाटले बॉम
सोडलें फर्मान लायलो कर्फ्यू !
खंय मोटारी, खंय मांड
कांय वस्ती, कांय बस्ती
पेटयल्यो
सोडलें फर्मान, लायलो कर्फ्यू !
मार्गार फुटल्यो, सोडा बाटल्यो
जळ्ळे टायर, पळ्ळे लोक
जीव वाटयत
सोडलें फर्मान, लायलो कर्फ्यू !

कांय चळवळ मागण्यो मागूंक
राज्याक भिरांत हे प्रजेची
सांबाळूंक खुर्ची
सोडलें फर्मान, लायलो कर्फ्यू !
एक कर्फ्यू कायदो पाळूंक

दुसरो अमलांत हाडूंक
तिसरो अस्मितायेक
जायते जाले, हिशोब ना..

हो कर्फ्यू, करोना खातीर
जाणी घाला घात मनीस जातीर
रावया घरा भितर, करुया साकार
मोदीजीं चो बरो विचार.

*****

सावट

मनशाक सावट शिटकायता
केन्ना केन्ना भेडसायता

बुदवंत मनीस फटावता
सावट ताका फुसलायता

आपालिपा खेळून घुस्पायता
मनांत ताच्या गोंदळ घालता

सावट मनशाक आपलेंशें करुन
दिस भर रावता लिपून

काळखांत अचळय येता पळोवन
मनीस कुडकुडटा पील जावन

सोपना केन्नाच तांचो पोरखेळ
कित्याक दोगांय मदें आसा बरो मेळ

मनीस मुखार सावट फाटीं केन्ना
सावट मुखार मनीस ताच्या फाटी

हो खेळ असोच चलतलो
पावलां कणकणी पळोवंक मेळटलो
पावलां कणकणी पळोवंक मेळटलो

*****

नजराणे

दिले कितले घेतले कितले
माणकां मोतयांचे णव रत्नाचे
केन्ना भांगरा रुप्याचे
राजान प्रजेक तर
प्रजेन राजाक नजराणे

एक नजराणो राणीचो तर
दुसरो दासीचो
कांय नजराणें मोगाचे
जाल्यार कांय युध्दाचे
आनी शांतिचे नजराणे

सोबित नजराणें नृत्याचे
तर कांय हस्तकलेचे
तशेच नजराणे ख्यास्तेचे
राज्याच्या फरमानाचे
सुख-दुख्खाचे नजराणे

राजान दिल्ले नजराणे
केन्ना मैत्रीचे केन्ना तिडकीचे
एका राजान दुसऱ्या राज्याक

पावयल्ले नव्या नात्याचे
भरभराटीचे सुख्र शांतीचे
पावन जाल्ले नजराणे

इतिहास जमा जाले नजराणे
इतिहास जमा जाले नजराणे

*****

आट्टा म्हादय

भावीक ही म्हादय माता
जिचें उदक अमृत जावन व्हांवता
गोंयचें मातयेचो गंद आमच्यांत उर्बा हाडटा

म्हजी म्हादय जिवीत फुलयता
शेतां-भाटां पिकयता
जिका लागून अन्नाचो गोटो जिबेर पडटा

सुवार्थ सादप्यांक तिचो विसर पडला
म्हादयक पळून व्हरपाक ते तरसल्या
सुशेगाद गोंयकारांची जीण निरास जाल्या

उठात गोंयकारानो उलो मारात
पळून व्हरतले म्हादयेक आडावन दवरात
बांद घालतल्यांक अद्दल घडयात

कोर्ट कचेरी खातीर निधी उबारात
जण एकलो मूखार सरात चलात उठात
आटट्ले म्हादयेक आदार दियात

*****

राखणो माकड

माकडा माकडा हूप हूप
पेरां दिता खूब खूब
आयकत तूं म्हजें उतर
घेता तुका पोरसा भीतर
नाजाल्यार बस आड्याभायर
खायत बडी तुजे फाटीर
मनशान काबार केलां रान
देखून तूं आमच्या गावांन
मनीस करता पिशेपणा
तूं मात दाखय शाणेपणा
पोरसांतल्या फळांक लावशीत हात
करुन घेशीत आपलोच घात
जावंक जिवीत तुजें थीर
दवर पोरसार बरी नदर
जायत तूं पोरसा राखणो
जसो घरचो मोती सुणो
पोसुंक तुका घेयन म्हणटा
तुज्या इश्टांक साखर वाट्टां
घाल ही तोपी माथ्याक
कर सुरवात पोरसूं राखपाक

आयच्यान तूं पोरसूं राखणो
गणवेशान ह्या दिसता देखणो

*****

शितळ कुळागर

आंबे पणस पोपाय
कुळागराची गिरेस्तकाय
दिता माड-माडयो
जिवाक शितळकाय

उशेणातलो पाणलोट
भागयत कुळागराची तान
पिकावळीक तोरां, घोटां, आंबे
अणस आनी पणस रसाळ

मर्दींच लांब भिरंडी
कोनशाक एका म्हशींग
आसरो घेवन वाडटा
जाणटेली पानवेल

वळसो घेत वाट काडीत
व्हांवतां उदक मुळांमुळांत
दिवंक सगळ्यांक पोसवणी
सोबवंक शितळ कुळागर

जंय सोबीत पाचवे सैम
सवण्यांचो चिवचिव मातयेचो गंद
भोंवता जळींमळीं सोदूंक
मनीस शितळ कुळागर
थंड शितळ कुळागर

*****

तिनसांजचो काजुलो

तिनसांजचो काजुलो
म्ह-यांत येवन बसलो
म्हाका पळोवन हांसलो
ल्हवूच हात लावन
हांवें म्हळें आयज हांगा सो

म्हणूंक लागलो
दीदी, तुकाच मेळूंक आयलो !
हांवें म्हळें
जेन्ना जाय सो दिस्तालो
तूं तर वयर वयर वतालो
आता कित्याक आयलो ?

घडये तूं विसरल्लें आसत
हांव गो तुज्याच वांगडा
वयर सकयल येवन खेळटालों
तुजी म्हजेर नदर आसतालीं
भुलुशिल्लें रुपडें तुजें पारखितालो !

अचकित तूं म्हाका
हातार घेवन तोखेतालें,
अपुरबायेन म्हणटालें
पिकी पिकी काजुलो...
मन जशें भरलें तुजें
मारीत फूंक तूं म्हणटालें

पिकी पिकी काजुल्या
वच तूं घरा तूज्या !

आता हांव आयिल्लो
मेळूंक सान भुरग्यांक
तीच उमेद घेवन..
म्हणत कांय ती म्हाका
पिकी पिकी काजुलो !
पूण...
म्हाकाच दिसपाक लागलें
जायते काजुले हातार नी
पूण..
तांच्या हातांत ...
दीस रात पिकपिकपी
जांतूंत तीं घुसपल्या
जावन गुल्ल सगळ्या वेळार

खंती जातां हांव
कोणूच दिना म्हाका भाव
पडला हांव एकसुरो, बेहाल,
कित्याक तर ....

जावन आसा सर्वस्व तांचो मोबायल !
नाका तूं जावंक दुखी काजुल्या
यो तूं सदां तिनसना
जातली कांय वेळांत
भुरग्यांचीं उगतीं मना !

*****

उबाळाचे दीस

उबाळाचे आसले दीस
भुरग्यीं बाळां भोंवता
जळीमळीं पुजोवंक
तोरां, काण्णा चुन्ना
काजू घोटां आनी पणस

सवर्णी लागल्या वेचूंक
गवताच्यो काडयोबडयो
सजोवंक आपलो घोंटेर
कित्याक तर
पावस येवंक रावला वाटेर

कोगूळ गायता नाद सुरीलो
सांगणें धाडूंक मळबाक
यो घेवन बेगीन पावसाक
भागोवंक तान सैमाची
करुंक मायभूंय शितळ
उडत ती रुखा रुखार

मोनजात लेगीत हूम गळयता
वाट पळयता सोपत केन्ना

उबाळाचे दीस
न्हंयें देगेर वचून बसता
भुरुभुरु वारो खायत
वाट पळेता सोपत केन्ना
उबाळाचे दीस

*****

सावंर

सावरीच्या झाडार
कावळ्याचो घोंटेर
घालुंक तांतूंत तातें
कोगूळ आतूर

सकाळच्या पारार
तांबडें फूल तेंगशेर
सवणी येतात उडोन
दिसता फुलां सोबून

भुरुभुरु वा-यान
हालत धोलत
बोंड उगडून
दिता कापूस सोडून

हुबत विलुदी कापूस
भोवता सगलो दीस
सांज जाता म्हणल्यार
फांकता पुराय वाड्यार

सावंर गो सावंर
ना कोणाची तुका सर
उबें तूं पसरावन फांदयो
सकयल तुज्या बसून
आयकुपाच्यो ब-यो वायट काणयो

*****

काजळी रात

शिकपी भुरग्याक
निमाणी परिक्षा म्हणल्यार
काजळी रात

काम सोदप्याक
मुलाखत सोपमेरेन
काजळी रात

लग्न जाल्ल्या जोडप्याक
संवसार थाटप
काजळी रात

जल्म दितले आवयक
प्रसववेणो झेलप
काजळी रात

रणभूंयेर योध्दाक
शौर्य प्रकट करुंक
मेळिल्ली काजळी रात

मंत्र्याक निवडणुकीत पराभव
पचोवंक सांगात दिता
काजळी रात

दुयेंतीक दोतोर
येत मेरेन वाट पळोवप
काजळी रात

सैमांत हुंवार
धरतरेर नासधूस हावळ हाडपी
काजळी रात

देशाची राखण करपाक
जवान शिमेर तत्पर , वंशाक ताच्या
काजळी रात

सुख दुख्खांत साथ दिवपी
काजळी रात
सोपन सोपना कशीच
ही काजळी रात

*****

भंगलीं सपनां

हावेस म्हजो शीममेर नाशिल्लो
खोल मनांत लिपवन दवरिल्लो
केन्ना तरी विदेशांत नोकरी करतलो
वाट पळेत पळेत वर्सां सारिल्लीं
अकस्मात आयलो निरोप
साटली पोटली घेवन यो युरोप

हांवे देवाक आर्गां ओंपलीं
दिवे लायले वाती पेटयल्यो
सोय-यां धाय-यां शेजा-यांपाजा-यांक
म्हज्या जिवलग इश्टांक
पार्टी दिली खोशी मनयली
मनांतलीं गुपितां सगळ्यांक कळयलीं

हाय रे देवा हें हांवें कितें केलें
विचित्र विचार आयलो कसो
चुकचुकली मनांत पाल
शिता फुडें मीठ कित्याक खालें
इतल्यान वाजलो म्हजो मोबायल
आवाज आयलो विसा केन्सल

पांयां सकल्ली जमीन हाल्ली
जाणे संवसारार भिरांत पातळायली

कोरोनान म्हजी वाट लायिल्ली
म्हजे विदेश ट्रिपीक नदर लागिल्ली
देव जाणां म्हज्या सारक्या कितल्या
तरणाट्यांची कोरोनान सपनां भंगयलीं
आमचीं सगळ्यांची सपनां भंगयलीं

*****

सुवाळो

देश म्हजो विस्तारलेलो
सगले तरेचे लोक आशिल्लो
देवा धर्माक मान दिवन
सणा सुवाळ्याची वाट पळयतलो

बोल्स सडसडीत पूण
ज्यूदी लकलकीत
मिरयत आपली तांक तो
नेटान मनयतालो सुवाळो

आपवणो ताचो मायेचो
मोगाचो आनी जिवाळ्याचो
थरला सुवाळो येवचें सगल्यांनी
सांगचें ताणे हांसत्या मुखान

कसलोय आसलो जरी सुवाळो
कमी ना केन्नाच ताचो उमाळो
सोयरे धायरे शेजारी पाजारी
दिता आदार करुंक बरी तयारी

दीस सुवाळ्याचो उजाडलो
तोंडार ताच्या हांसो फांकलो
सगळे जशे येत रावले
एक-एक करुन माटवांत सोबले

मन रिजवणे कार्यावळीन
सुवाळो जालो रंगयाळो
समेस्तांक मानवलो तेन्ना
आफावणो आपसूंक भुल्लुसलो

*****

ख्यास्त

मोड एक अशें आयलें
जिवीत विरुस करुन गेलें
ना तुजो गुन्याव
ना म्हजो गुन्याव
आपसांत कोडवासाण भरुन गेलें

मन मेकळें केल्लें हांवें
पेटवंक तुजे काळजा दिवे
सुताक सूत मेळ्ळें ना
दोगायचे संबंद जमले ना
ख्यास्त अशी मेळ्ळी
गुन्याव कोणाचो कळ्ळो ना

मोग आसलो आमचो खरो तर
मना कित्याक जुळ्ळीं ना
सपनां कित्याक फुल्लीं ना
कोण कोणाक विसरलो ना
हीच तर ख्यास्त गुन्याव नासतना

वाट पळेत वर्सां सरलीं
तुं येतलेंच केन्नाय तरी

मनाक सदांच दिसतालें
आदल्या जल्मांत केल्लें पाप
ताची भोगता आतां खयास्त
सांग गो चलये कोणाचो गुन्याव
भोगची पडली असली खयास्त

*****

शिटूक

आसा एक शिटूक
ताचे प्रस्न लायता विचार करुंक
एक सोंपलो तर दुसरो तयार
हें अशें तें तशें कित्याक
जापोय ताच्यो हजरजबाबी
केन्नाय तयार करुंक भासा-भास
विचारनाका हें बिरुद ताका
पडले कशें सान आसतना
आजयेक पळोवंक
हॉस्पिटलांत व्हेल्लें

हातांक सूय तोपिल्ली पळोवन
म्हणटा कशें आजी तुकां कितें जालें ?
पळोवन बायचें भुरगेपण
आजयेच्या दोळ्यांत दूक आयलें

हांव दामता गे तुजो हात
जातली बरी तूं बेगीन
आयकून ताची उतरां
पिराये परस
व्हड ताचीं शाणेपणा

दोतोर बाबान नकळत म्हणलें
हें तर आमचें शिटूक !
नांव ताचें मानसी
सकाळी उठपाक मातशें आळशी
हांव म्हणटा न्हिदुनच रावशी
एदोळ उठलां हांव तोंड घाशी
ताची जाप हजारजबाबी ही अशी

*****

तें

म्हजो अभिमान तें
अहंकार तें
कवन तें
गिरेस्तकाय तें
सपन तें
ताचे शिवाय जीण
ती कसली सगल्यांच्या
जिणेचो आदार तें

म्हजो आत्मो तें
संवसार तें
शीण तें
लज तें
श्रृंगार तें
जण एकल्याचें
सासाय तें ताच्या विणें
जिणे रिते

म्हजो धर्म तें
संस्कृति तें
ईर्शा तें
आशा आकांशा तें

सर्वस्व तें
आत्मो निरागस जिवीत अळणी
ताचे बगर

तें आसत तर परमळ
नासत तर जिवीत
काजळी रात सदांकाळ
तें म्हज्या काळजांतलें
सांबाळ करपी अशें
जिवीताची वाट दाखोवपी
म्हजें माणकुलें गोंय तें

*****

संद

मेळपाक संद नशीब लागना
ती केन्ना मेळत हाचो भरवंसो नासता
ती आमकां तुमकां कोणाकय मेळूं येता
जाका मेळटा तो करता आळसाय
जाका मेळना ताका जाता नसाय

संद कोणाची वाट पळेना
ती आपुलकायेन म्ह-यांत येता
तेन्ना पुराय लाव घेंवं येता
मांडणी आंखून जो वावुरता
जैत तोच मेळोवंक पावता

संद कसलोच भेद-भाव करिना
काळो-गोरो गरीब-गिरेस्त
ताच्या मुखार सगले एक समान
संद जावन आसा न्याय देवता
पात्र आसता ताचे वटेन न्याय दिता

मेळिल्ली संद वगडावंक जायना
आमकां ती परत मेळचीना
सुप्त गुणांक वाव दिवन
उंचेलो हावेस मनांत दवरुन
जीण यशस्वी करची जण एकल्यान

*****

बाजार

जण एकल्या जीण
एक बाजार जंय
कोणेंय कितेंय
विकत घेवचें
फकत जाय पयशे

कपड्यांचो नुस्याचो
फळांचो फुलांचो
पुस्तकांचो तरेकवार
वस्तूंचें लायता आकर्शण
कोणेय वच्चें
करुंक बाजार

पोटाचे भुकेचो
साक्षरतायेचो बाजार
तेच परी देहबाजार
भुरग्यांचो जाणट्यांचो
भविश्याचो बाजार

मनशाक निमित
करुंक बाजार
हें जाय तें जाय
सोपून सोपना

गरज्यो तांच्यो
हीच जिणेची रीत
मानून करता बाजार

घरां भितर
अस्ताव्यस्त पडत जर
घरकाम्न म्हणटा कित्याक
मांडलो तुवें बाजार
आमचे जिणेचो भार
जावन आसा एक बाजार
तरतरांचे जिन्नस
हांगा मेळटा
ना मेळना फकत
मोग आनी मायपास

प्रस्न पडटा म्हाका
सत कांय कितें ?
जीण जावन आसा
एक मेकळो बाजार

*****

दीस श्रावणाचे

दीस पावसाचे वोता सावळेचे
सणा परबेचे श्रावण म्हयन्याचे
सगळ्यांचें खोशयेचे
दीस हे श्रावणाचे
सैम सोबीतकायेचे

सळ सळ पावसाचे वा-या ल्हारांचे
खेळ वत पावसाचे
सोबीत फुलांचे आयतार पुजपाचे
दीस हे श्रावणाचे
सैम सोबीतकायेचे

ईंद्रधणू मळबा पोल्यार
झरी उदकांत न्हावपाचे
सात रंगा वरी मन खोशयेन
रंगोवचे रे मन रंगोवचें
दीस हे श्रावणाचे
सैम सोबीतकायेचे

श्रावण जसो रंगार आयलो
जाया जूयां परमळ फांकलो
नटली सजली धरतरी
पाचव्या शालून उठून दिसली

भारावलें अतृप्त मन
दीस हे श्रावणाचे
सैम सोबीतकायेचे

मेळचें जैत जण एकल्याक
फुडाराक करूंक वावर
गरीब दुबळ्यांचें जांव दी बरें
सपन दोळ्यांतलें जावचें खरें
दीस हें श्रावणाचें
सैम सोबीतकायेचे

*****

Shell
Poem -> Dev
MAN

KONKANI BHASANI SANSKRITI PRATHISTAN (R) *
World Konkani Centre
Lobo Prabhu Nagar,
Konkani Gaon,
Shakthinagar,
Mangaluru,
575 016.

कोंकणी कवितेन आपणाक तरांतरांनी अभिव्यक्त केल्या. केन्ना ती गीतरांगेच्या ल्हारांचेर स्वार जावन प्रगटल्या. जाल्यार केन्ना ती छंद-मात्रच्या नादाचेर ताल धरीत उतरावल्या आनी तितलीच ती मुक्त छंदातल्यानय गायत गायत आपणालें रुप उगतायत आयल्या. जितली ती गेय रुपकारांत अवतरल्या तितलीच ती बंध-विरयत मनमेकळ्या पणान आपणालें रुप उगतायत आयल्या. ते नदरेन पळयल्यार एच मनोज हांच्या मनोभावान तिका उगत्या मळार मनमुक्त पावली मारपाची मेकळीक दिल्या. तिणें छंद-मात्रांची आडवणां कुशीन दवरल्यात आनी आपणाली एक विशिष्ट अशी चाल चलप तिणें पसंत केल्या.

ही कविता चडशी एका विशयाक व विचाराक घट्ट धरून, आडमोडणां घेना आसतना आपणालें मन वा मनोभाव व्यक्त करता. देखीक डायरी' ही कविता.

हे कवितेंत मन एक डायरी अशें म्हणत कवी बरयता...

काळजाच्या काळखाकुडींत
भुरभुर व्हांवत्या स्वासांत
काळ्या कुट्ट तुज्या दोळ्यांत
याद करपाक मेजल्यो राती
केली जीण हुस्क्या मेकळी
त्या खिणाची याद करपी
'मन' एक डायरी

– नागेश करमली